आकाशवाणी पणजी

राष्ट्रीय खबरो

Date : 05/11/2025 6.30 PM

शीख धर्म संस्थापक गुरू नानक हांची 556 वी जयंती आयज धर्मीक उमेदीन मनयली.राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी गुरू नानक जयंती निमतान सगल्या नागरिकांक परबी दिल्यात. हो दिस सगळ्यांक गुरू नानकचे आदर्श आनी मुल्यां आपणावपाची प्रेरणा दिता आनी एक बरो समाज उबारपाचे दिकेन मार्गदर्शन करता अशें ताणी सोशल मिडिया पोस्टांत म्हणला.

उपराष्ट्रपती सीपी राधाकृष्णन हाणी आयज छत्तीसगढांतल्या रायपूरात भारतीय वायुसेनेच्या सूर्य किरण एरोबेटिक पंगडान सादर केल्ली हवाई प्रात्यक्षिका पळयली . छत्तीसगढ राज्य स्तापणुकेच्या रुप्या महोत्सवी वर्सा निमतान आयोजित केल्या उत्सवाचो हो एक भाग आशिल्लो. हया वेळार राज्यपाल रमेन डेका, मुख्यमंत्री विष्णु देव साई आनी हेर मानेस्तूय हाजीर आशिल्ले.

विदेश मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी भारत-जपान भागीदारी इंडो-पॅसिफिकात धोरणात्मक स्थिरताय वाडोवपाक योगदान दिता अशें म्हणला. नवी दिल्लीतील जाल्या ८ व्या भारत-जपान इंडो-पॅसिफिक मंचाक संबोधित करताना ताणी म्हटले की

अक्षय उर्जा मंत्रालय हया म्हयन्याच्या 11 आनी 12 तारखेक नवी दिल्लींत आंतरराष्ट्रीय हरित हायड्रोजन परिशद घडोवन हाडटा. हरीत हायड्रोजन उत्पादन वाडोवप, मुळावी बांदावळ सक्षम करप, मागणी वाडोवप आनी संवसारीक सहकार्याक चालना दिवपाच्या वेव्हारीक मार्गांचेर गिन्यान पातळावपाचो हे परिशदेचो हेत आसा.

इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्रालयान आयज नवी दिल्लींत भारत एआय गव्हर्नन्स मार्गदर्शक तत्वांचें अनावरण केलें. वेगवेगळ्या मळार एआय सुरक्षीत, समावेशक आनी जापसालदारपणान आपणावपाची खात्री करपा खातीर ही मार्गदर्शक तत्वां एक व्यापक चौकटी आसा . इंडिया एआय मिशन हे पर्यावरण यंत्रणेक सशक्त करतलें आनी जायत्या राश्ट्रांक प्रेरणा दितलें अशेंय भारत सरकाराचे मुखेल वैज्ञानिक सल्लागार प्रा.अजय कुमार सूद हांणी सांगलें.

25 लाखां वयर लोकांनी आपले डिजिटल लायफ प्रमाणपत्र तयार करपा खातीर फेस ऑथेंटीकेशनाचो वापर केला अशे कार्मिक, भौशीक कागाळी आनी पेन्शन राज्यमंत्री डॉ जितेंद्र सिंग सांगले. ताणी आयज नवी दिल्लींत राष्ट्रव्यापी चवथी डिजिटल लायफ सर्टिफिकेट मोहीम चालिक लायली.

बिहार विधानसभा वेंचणुकेच्या पयल्या पावन्द्यार फाल्या बिरेस्तारा 18 जिल्ह्यांतल्या 121 विधानसभा सुवातीनी मतदान जातलें वेचणुकेखातीर पुराय वेवस्था केल्या. पयल्या टप्प्यांत वट्ट एक हजार 314 उमेदवारांचो राजकी फुडार तीन कोटी 75 लाखां परस चड मतदार थारायतले. दुसरो आनी निमाणो टप्पो 11 नोव्हेंबराक जातलो आनी मतामेजणी 14 नोवेमबारक जातली.

भारतीय नौदळ फाल्यां कोच्ची नौदळ तळाचेर इक्षक जहाजाक औपचारीकपणान सेवेत दाखल करतलें. हो सुवाळो नौदलाचो मुखेली एडमिरल दिनेश के त्रिपाठी हांचे हाजिरेंत जातलो. इक्षक तारवाक लागून भारतीय नौदलाची तांक वाडटली आनी जहाज बांदपाच्या मळार भारताच्या वाडट्या आत्मनिर्भरतेची इक्षक ही एक देख आसा अशें संरक्षण मंत्रालयान सांगलां.

भाजपाचे वडील फुडारी आनी केंद्रीय मंत्री किरेन रिजिजू हाणी काँग्रेस फुडारी राहुल गांधी हांच्या निवेदनाचेर टिका केल्या. आयज नवी दिल्लींत पत्रकारां कडेन उलयतना तांणी सांगलें.

हाचे आदीं लोकसभेंचे विरोधी पक्ष फुडारी राहुल गांधी हाणी हरियाणा विधानसभा वेंचणुकेंत व्हड प्रमाणांत फटवणूक जाल्ल्याचो आरोप करून भारतीय जनता पक्ष आनी वेंचणूक आयोगाचेर खर टिका केल्ली.

भारत अमेरिका द्विपक्षीय संबंदा विशीं अमेरिकेचे अध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प खूब सकारात्मक आनी दृढ आसात अशें व्हाइट हाउसाची प्रेस सचीव कॅरोलीन लेविट हांणी सांगलां.

भारतीय हवामान खात्यान आज तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकालांत काय सुवातींनी घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.

गोयात चालू आशिल्ल्या एआयएफएफ सुपर कप फुटबॉल सर्तींत आयज सांजें साडेसात वरांचेर फातोर्डाच्या जेएलएन मैदानार पंजाब एफसी बेंगळुरू एफसी आड खेळटलो.